**नॅट/सॅट परिक्षा मार्गदर्शन कार्यक्रमा खातीर नोंदणी**

ता. 11 जुलय 2024

उच्च शिक्षण संचालनालयान नॅशनल टॅस्टिंग एजन्सी (एनटीए) वतीन आयोजीत करपात येवपी युजीसी नॅट परिक्षेक बसपी उमेदवारांखातीर मार्गदर्शन कार्यक्रम जाहिर केला. उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या फाटल्या पाच वर्साच्या मार्गदर्शन कार्यक्रमांत सहभागी जाल्ले 211 विद्यार्थ्यी युजीसी नॅट/जेआरएफ आनी सॅट परिक्षेक पात्र थारल्यात.

नॅट/सॅट मार्गदर्शन सत्रात सहभागी जावपाक इत्सुक आशिल्ल्या उमेदवारांनी नाव नोंदणी खातीर **https://forms.gle/qwnP9GHDz4RkvQyy5** चेर उपलब्ध आशिल्ले गुगल फॉर्म भरपाक जाय. नाव नोंदणी खातीर गुगल फॉर्म भरून सबमीट करपाची निमाणी तारीख 17 जुलय 2024 आसा.

18 ते 23 जुलय मजगती नोंदणी कार्ड जारी करपात येतले. जातीचो दाखलो, विद्यार्थ्याचे वळखपत्र तपासल्या उपरांत आनी नोंदणी शुल्क फारीक केल्या उपरांत कार्ड जारी करतले. नोंदणी शुल्क उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या स्टॅटिस्टिकल विभागात रोख फारीक करपाक जाय. सर्वसामान्य वर्गातल्या विद्यार्थ्यां खातीर 300/- रूपया, ओबीसी 250/- रूपया, दिव्यांग 150/- रूपया आनी एससी/एसटी विद्यार्थ्यां खातीर 100/- रूपया नोंदणी शुल्क आसा.

पयलीच्या मार्गदर्शन कार्यक्रमांक सहभागी जाल्ले आनी नोंदणी कार्ड आशिल्ल्या विध्यार्थ्यांनी नवीन नोंदणी करपाची आनी शुल्क फारीक करपाची गरज ना. तांणी थेट मार्गदर्शन कार्यक्रमाक उपस्थित रावचे. मार्गदर्शन कार्यक्रमाची सविस्तर म्हायती नोंदणी कार्ड जारी करपा वेळार दितले. चड म्हायती खातीर श्री. एन्थनी (9822585141) वा श्री. सुभाष (9923484696). हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/303

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.